**उपमुख्यमंत्री आजगांवकर हांणी लाडलीलक्ष्मी येवजणेची मंजुरी पत्रां वांटलीं**

ता. ६ जुलय 2021

उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी आयज पेडणे मतदारसंघातल्या १५० लावधारकांक लाडलीलक्ष्मी येवजणेची मंजुरी पत्रां वांटलीं.

पेडणे हांगा आयोजीत कार्यक्रमात लाडलीलक्ष्मी येवजणेची मंजुरी पत्रां भेटयल्या उपरांत उलयताना श्री. आजगांवकर हांणी म्हणले, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखालच्या सरकारान कोवीड म्हामारीच्या काळांत लेगीत सर्गेस्त मुख्यमंत्री मनोहर पर्रिकार हांणी सुरू केल्ल्या लाडलीलक्ष्मी, गृहआधार अशां येवजणांच्या लावधारकांक आर्थिक मदत दिवपाचे चालूच दवरले. तशेंच सरकारान पेडणेतल्या णव हजारापरस चड कुटुंबाक रेशन वांटलें. मुख्यमंत्र्यान पेडणे म्हालांत भेट दिवन चक्रिवादळाक लागून जाल्ल्या लुकसाणीचीय पळोवणी केली, अशें श्री. आजगांवकर हांणी सांगलें.

पेडणे म्हालात येवपी मोपा विमानतळ, इंटरनॅशनल स्टेडियम, आयुष हॉस्पिटल, रविंद्र भवन आनी हेर प्रकल्पांची म्हायती दितना श्री. आजगांवकर हांणी ह्या प्रकल्पांक लागून पेडणेच्या थळाव्या तरणाट्यांक रोजगाराच्यो संदी उपलब्ध जातल्यो, अशें सांगलें. सरकाराआडच्या अपप्रचाराक बळी पडनासतना लोकांनी विकास प्रकल्पांची कामां पुर्ण करपाक सहकार्य करपाचोय तांणी ह्या वेळार उलो मारलो.

पेडणेच्यो नगराध्यक्षा श्रीमती उषा नागवेकर, चांदेल-हंसापूरचे सरपंच संतोष मळीक, नगरसेवक, पंच आनी जिल्हा पंचायत वांगडी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ले.

तुळशीदास गावस हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/5

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji